नक्षत्री

आर·एस·भास्कर

With Best Compliments From
Dr. TMA PAI FOUNDATION
Syndicate House
MANIPAL-576104

नक्षत्राँ

काव्यसंग्रह

आर. एस. भास्कर

1995

NAKSHATRAM
(Konkani Poems)

R. S. BHASKAR

First Edition 1995

Copy Right
Smt. Radhamani Bhaskar

Printed at :
Jyoti Printers, Chathari-Tripunithura

Publisher :
Kerala Konkani Academy, Cochin-6

Price :
Rs. 40

ISBN-81-85367-26-4

Cover Design
Sri. Vamanan Namboodiri

समर्पण

प्रथम विश्व कोंकणी संमेळनाक

विनीतपणान

भास्कर

तेजिष्ट विचार दीवनु गेल्लो बापूस
सर्गेस्त रामदास वासुदेव शेटी
आध्यात्म रामायण महाकाव्य सदां
म्होण दीवनु म्हजें चित्त पर्जळीत
केल्लो मावळो
सर्गेस्त मुरारी शंभु शेटी
साहित्याचा वाटेन तान हाडिल्ली
मायेस्त आका
सर्गेस्त अश्विनी परमेश्वरन
हांचो हांव रिणी

डा. मनोहर राय सरदेशाय
डा. के. जी. अडियोडी
श्री. पुंडलीक ना. नायक
श्री. उदय भेंब्रे
डा. एल. सुनीता बाय
श्री. पी. जी. कामत
श्री. शरतचंद्र शेणै
श्री. आर. एस. चन्द्रन

हांकां काळजांतसावन उपकार

—भास्कर

पयली प्रशस्ती

☐ नेमाळीं

कोंकण जनता, कोची
ऋतु, गोंय
दिवटी, कोचो
पचकादायी, मंगळूर
सुनापरांत, गोंय
जाग, गोंय
कोंकण टायम्स, गोंय
वैश्वभारती, गोंय

☐ प्रस्तुती

आकाशवाणी, धारवाड
आकाशवाणी, पणजी
अखिलभारत कोंकणी परिशद, कोची 1986
अखिलभारत कोंकणी परिशद, गोंय 1990
अखिलकेरळ कोंकणी कलासाहित्य संमेळन 1991
अखिलकेरळ कोंकणी कविसंमेळन, साहित्य अकादमो 1992
अखिलभारत कोंकणो कविसंमेळन, 'पोरोब', 1992
कोंकणी लोकवेद संमेळन, केरळ 1994

□ संग्रह—संकलन

1985—पंचायतनाची भजनमाळा

1986—कविता ८३–८४–८५

1992—अक्षरां

—कवनां झेलो

—फुलां आनी कळे

—PRATEECHI DIGEST

1995—साहित्य संकलन

□ पुरस्कार—भोवमान

1980—अखिलकेरळ वैश्य संमेळन, कोची.

1993—केरळ वैश्य समाज

1994—वैश्य वाणी समाज श्रीकृष्णाश्रम गुरुमठ, हळदीपूर.

—कोंकणी भाशा प्रचार सभा, कोची.

1995—स्कूळ आफ मातामाथीक्कल सयनसस,
कोचीन यूनिवेरसिटी.

—गोकुलदास प्रभू—आर. एस. भास्कर संयुक्त
अनुमोदन समिती, कोची.

—वैश्य यूथ असोसियेषन

—कोचीन यूनिवेरसिटी एप्लोयीस यूणियन

—कोचीन यूनिवेरसिटी एमप्लोयीस
कोओपरेटीव सोसयटी

□ सदस्य

कोंकणी सल्लागार समिति, साहित्य अकादमी, दिल्ली.

अखिलभारत कोंकणी परिशद, गोंय.

केरळ कोंकणी अकादमी, कोची.

कविते विशीं

नक्षत्रां मळबार, फुलां धर्तरेर, अक्षरां कागतार ! श्री. आर एस. भास्करालो कविता आमकां तिनीचेंय सौंदर्य समजायता. कोमान कोस पयस आसूनूय हांचें नातें लागीचें म्हण कवि दाखोवन दिता. दिसपट्या जीविताचे गोंदोळांत घुसमुटून दीस काडचे शारेल्याक शेंबभर थडाय दिवन, चिमटो उजवाड दिवन ताजें जीवित परमळावंचो कविता ही. श्री. भास्कर आयचो कवि; आनी फायचोय बी ! 1992 वर्सा हांगेलो पयलो झेलो "अक्षरां" आमी उजवाडायलो ताजो वास चौवशीं पसरलो म्हण आमकां खोस भोगता. ताजे प्रस्तावनेंत श्री. पुंडलीक नायकान म्हळें—"कवीली जाणीव बरीच जून आनी नवर तीक्ष्ण आसा !" अक्षरांची आलोचना करतना श्री. पी. जी. कामत म्हणटात "भास्कराली कविता वाचतना मनाक उल्लास भोगता आनी आमगेले साहित्याचे फुडाराविशीं उमेद फुलता !" भावात्मक कवितेचे चर्चेंत श्री. शरतचंद्र शेणैन म्हळें "थोडे कवितें-तल्यान हो कवि आपण्यालें स्वत्व सोदता तरी थोडे कवितेंतल्यान तो जगाकच मापीता !" अक्षरां नियाळून डा. पल मुनीना बाय म्हणटात—"भास्कराले विचार मौलीक आनीक भावसुंदर !"

महाकवि मनोहर सरदेसायानी कवीची बरी प्रशंसा केल्या आनी मायेमोगान सहजशैलींत ह्या संग्रहाक मोलादीक प्रस्तावना बरयल्या. तांकां हार्दीक धन्यवाद !

फाटले वर्स आमी श्री. पी. एन. शिवानन्द शेणैलो कवितासंग्रह रसिकांक भेटयलो. केरळांतली कोंकणी कविता आज खंचे पांवड्यार पावल्या म्हण दाखोवन दिवंचे हे दोग कवि. आयची कविता म्हण जी मुकार येता ती सहृदयाचे अंतस्कर्णांत अनुभूति जागोवंची. ज्ञान विज्ञान दिवप न्हय आपलें सहज काम अशी ती वळखल्या ! आतां ती शिकयना तरी शिटकायता ! परमळना तरी परमळायता ! लिकलिकचे उतरांचो शिंगार सोडला तरी भव्य जीवस विचारांचो भांडार आपणायला !

गोड मोवाळ उतरांचें छांदस पद्य वाचकांले जिबेर घोळता. कोडु तीख उतरांचीं कोपीष्ट कवनां तरनाटे तोंडपाठ करतात. संगीतात्मक गीत-गाथा बायलो आलापन करतात. पुण आमचे भावात्मक कवितेची वसती सहृदयाले हरद्यांत ! कागतावेलीं अक्षरां काळीं तरीय ही कविता सहृदयालें अंतस्कर्ण उजळ करता ! वाचतावाचतां हीं वेंचीक अक्षरां आकार परतून हजारानी फुलां जावन आमचें काळीज परमळायतात ! नक्षत्रां जावन चित्त परजळायतात !

—केरळ कोंकणी अकादमी

मांडावळ

म्हान आमचो भारत 13
प्रिय नक्षत्रानो 15
शांत जा भुंये 18
पांजर्यांतलो कीर 21
नष्ट 24
मना तूं अस्वस्थ 25
पिठो जालो फातराचो 27
मुखार वचाय 29
तूं फूल जा 31
रोयलें तें लुवता 3
कस्तूरीचो परमळ 33
तेल सेण्डील्लो रडता 34
कुमसार 35
अभिमान 36
तो तूंच 38
कोंकणी 41
मातये बावली 42
वर तूं कोणाक दिता 44
कोपु तुजो बुडलो 45
लिखणी 46
व्होडो रुचलोना 48
परब 49
म्हजो देश 52
नाराणत्त 53
पौषाचीं मोतीं 56
तुजा उतरांत म्होंव भल्ला 57
निंदा 58
प्रकृतीचो गंध 60
मेळु मांडलो ना 61
फुलझाडी फूल 62
सोमालीया प्रिय सोमालीया 64
चवथे माटवी 65
तूं दूर राब 67
उतरां 69
निळा आजून व्हावंता 71
काकालीन 73

○

नखेत्रां किदें सांगतात ?

“अक्षरां” उप्रांत हीं “नखेत्रां.” श्री. आर. एस. भास्कर “अक्षरांत” म्हण्टालो—

“आशिल्लीं तीं
अक्षरां सगलीं
आज माका
नष्ट जालीं, नष्ट जालीं”

नष्ट जालीं ? ना. नष्ट जावंक ना ! तीं नखेत्रां जावन आज आमचे भेटेक आयल्यां. “अक्षरां” हीं मन–मळबांतलीं “नखेत्रां” तर “नखेत्रां” हीं मळबांतलीं अक्षरां. “अक्षरां” आनी “नखेत्रां” हांचें लागचें नातें—उजवाडाचें.

कवी म्हण्टा—

“प्रिय नक्षत्रांनो
पुनवेच्या चन्द्रमाक
पंचारती उवाळाय
पालखेमुखार
दिवट्यो जायाय.”

केरळचे पवित्र भुंयेर जंय “निळा आजून ब्हांत्रता” थंय मळबांतलीं अक्षरां काव्याचीं उतरां जावन सकयल देंवल्यांत, हातांतलीं कांकणां जाल्यांत, पालखेमुखार दिवट्यो जाल्यात. कोंकणी काव्याच्यो नक्षत्र-उत्सव आतां पयस ना.

नक्षत्रांक कवी धर्तरेर आपयता, मळब आनी जमीन हांचें सासणाचें नातें जोडूंक. पुण जमीनूच जेन्ना क्रोधान कांपता तेन्ना कवी परार्थिता—

“शांत जा मांये
शांत जा”

आनी जमनीच्या क्रोधापरस मनश्यांचें दुश्टपण कवीच्या काळजाक चड खंत भोगयता.

“मनीस—
मनशाकच मारता
जिवोच कातरता
जिवोच लासता
जिवो चाबता
जीव आसतनाच पुरता”

हे कवीक समस्त संवसाराचो, अखिल मनीस-जातीचो मोग. सोमालियांतलो आकांताळो दुकळ पळोवन तो हुस्कारता—

“भूक
भूक मोरूनूच निवाळका”

“आषाढांत पावसाक मातयेचो वास” तसो भास्करांच्या काव्याक पर्मळीत केरळ भुंयेचो गंध आसा. भाशेक जिबेवेल्या उतरांचें सादेपण आसा.

कवीच्या काळजाक तोंपता आसचो गळून पडिल्लो अभिमान.

पद्मव्यूहांत घुपसल्ले
अभिमन्यू सारकोच
आज जाला—
म्हजो
तुजो
अभिमान—”

ह्या काव्याच्या हारशांत तुमचें रूप पळोवंचें. तुमकां “सामको मनीस” मेळटलो.

कवीक लिखणेची व्हडवीक खबर आसा :

“जें म्हाका आज मेळता
सगळो वांटो तुकाच आसा”

आनी गीताची व्हडवीक कितली वर्णुपाची ?

"गालावेलो कोंपु लेगीत
गीतांत बुडटा."

हो कवी फक्कत उतरांत घुस्पून उरना. तो नुलयत कांय विचार शिंपडायता, कांय उमाळे जागयता, कांय सपनां चितारता.

"पिठो जाला
आमच्या फातराचो
पिठो जाला
आमच्या मनीसपणाचो"

भास्कराच्या काव्यांतले अळंकार भाशेक सोबून दिसतात. थोडेच आनी ल्हवपीक—वाली आंगार जशीं रंगयाळीं फुलां.

भास्कराची केरळी छटा आसलेली कोंकणी भास समस्त कोंकणी लोकांक कळपी अशी. प्रमाण कोंकणीचें आनीक दुसरें कसलें प्रमाण जाय ?

थोड्याच उतरांनी चड सांगपी आनी मनमळबांत चिंतनाचो उजवाड घालपी अशीं हीं नखेत्रां. लिकलिकपी उतरांत विचार उलयतात.

नखेत्रांचेर आनीक उजवाड घालपाची कितें गरज ?

—मनोहर राय सरदेसाय

पणजी

11—2—1995

म्हान आमचो भारत

जागोर आमी जावपाचें आसा
अळसपण सोडपाची आसा
देशा खातीर एकचाराचो
प्रेमाळ इतिहास रचपाक आसा

मायेस्त आवयचीं भुरगींबाळां आमी
म्हान पैतृक वावुरपी आमी
मित्रताय आमचांत वाडोवन हाडूंया
देश भर आमी शांती फुलोवंया

भास म्हजी भास तुजो म्हणाय आमी घराच्चीं
गाँव म्हजो गांव तुजो म्हणाय आमी दायजीं
स्वार्थ केन्ना खातीर हुमटावन उडोवंया
अखंडताय आमी सदांकाळ राखूंया

सिंधु गंगा मांडोवी गोदावरी
स्नेहगीतां गायतात निळा आनी कावेरी
प्रकृतीन उदारपणानीं पातळायल्यांत हांगा
सद्भावना अंकूरपी सोबीत दृश्यां

काश्मीरांत साकून कन्याकुमारींत
पसरल्या वायूक पुण ना रे भेदभाव !
सगटानी आमी भाव भाव मानून
विसरूँ दियात रे जाती भेद !

○

प्रिय नक्षत्रानो–

प्रिय नक्षत्रानो—
तुमी थांगात्र पर्जळून राबाय.
उदेंत सूर्याक
लठ्ठी उदक दाकयाय.
पुनवेचा चन्द्रमाक
पंचारती उवाळाय.
मळबार सदां
चमत्कार मांडाय
वर्स भर
प्रिय नक्षत्रानो—

वैशाखांत पुण
एक रातीन मात्र
एदे घडियांक
तुमी सकल येयाय.
गावांत म्हजा
जात्रा आसा
विष्णुदेवालो
दिग्विजय आसा
त्या वेळा
तुमी सकल येयाय.

देवाले किरीटाक
सोब घालाय
कपलावेल्या तिळ्याचेर
थापून राबाय
देहावेल्या माळेचेर
लांबून पडाय
अंगवस्त्राचेर
तिबे जायाय.

With Best Compliments From
Dr. TMA PAI FOUNDATION
Syndicate House
MANIPAL - 576104

कुरटावेलो
पाटो जायाय
कुंडल जायाय
कानार लांबाय
हातार कंकण जायाय
पायार वाळे जायाय.

पालखेंत
झळार जायाय
पालखे मुखार
दिवट्यो जायाय
केरींत फांतीं राबून
चकचकीत उजवाड घालाय
भांगरापुडी हापडून
रसत्यार सितोड कराय
उपरांतच परतून वचाय—
प्रिय नक्षत्रानो—

○

शांत जा भुंये

मांये भुंये
शांत जा.
शांत जा मांये
तूं शांत जा.

आज तूं
साबार कोपल्या
कोपान तापल्या
तापून कडकडेल्या
देखून
सत्यानास जाला.

तेरणीचा देगांर बाळगेवन हाडिल्या
सान सान सपनांची धूळ जाल्या.
पुराय ग्रामां
मसण जाल्यांय.
एदे प्राण पुण
रडूंक मात्र वांचल्याय.
दळिद्र एका जनपदाक
मूळ सयत हुमटावन उडेयला.
नाका मांये नाका
कोप इतलो नाका.
शांत जा मांये
तूं शांत जा.

मनशां खातीर
सगल्यांक पिडा जाता.
मनीस—
मनशाकच मारना
जिवोच कातरता
जिवोच लासता

जिवो चाबता
जीव आसतनाच पुरता
कागत जसींच
पिंजून उडेयता—
तें तो स्वार्थी जाल्यान—
तें ताज्यांत मनीसपण नासल्यान—

म्हणून तुका
खेद नाका
म्हणून तुका
कोप नाका
तूं
क्षमावंत
तूं
सगल्या प्राण्यांक अम्मा !
शांत जा मांये
तूं शांत जा
शांत जा
शांत जा

○

पांजर्यांतलो कीर

पांजर्यांतलो
कीर म्हजो
उडचि सवंय
विसरलो.

पांजर्यांतल्या
कीराक हावें
उलोवंचाक
शिकयलें—

बंदी म्हज्या
सवण्याक
आवडलें तें
खावयलें—

आंबसाणीचें
करम्बल दिलें
तिकसाणीचि
मिर्यासांग दिली
गोडसाणीचो
आंबो दिलो
रसाळ पिको
काजु दिलो
चोणो दिलो
चवळि दिली
कीराक मस्त
लाळयलो—

अपुर्बाय दिसून
काकुळटाय दिसून
पांजर्यांचें कवड
उक्तें घालें—
पापिष्ट पुण
ना उडलो
उडचि सवंय
विसरलो.

पांजर्यांतलो
कीर म्हजो
उडचि सवंय
विसरलो.

○

नष्ट

शैशवांत
केन्ना केन्ना
हांव आशेलों
यौवनांत पावंपाक—

कोण कोणाक
विसरलो आज
कोणाक कोण
नष्ट जालो
म्हाका शैशव
काय
शैशवाक हांव……

○

मना तूं अस्वस्थ

मना,
तूं अस्वस्थ—
सांजेवेळाचो हो धन्य म्हूर्त
तुका बेगळो देख
मना,
तूं अस्वस्थ—

अस्तंतेचें सूर्यबिंब
आज तुका रक्ताघूळो
सागोर निष्टूर दैत्या सारको.
निस्तेवंपि रगत चिवून घेता
नाचपि ल्हारांक फाटीर लागल्या
धाट धाट रक्तशाय.
निदळ मळब्रावेल्यान धांवपि सवण्यांक
आज चड अमसोर.

तांकां
घर पांवचें आसा
दार धांपचें आसा
रक्तबोंबाळा खातीर
तांचो भिरांत लागला.

मना,
तूं अस्वस्थ
आज
हो संगीतभर सूर लागेन
तुका अट्टहास जसो.
मना
तूं अस्वस्थ न्हय ?
सांजेवेळाचो हो शांत म्हूर्त
तुका अशीच भोगचना

○

With Best Compliments From
Dr. TMA PAI FOUNDATION
Syndicate House
MANIPAL - 576104

पिठो जालो फातराचो

पिठो जालो—
पिठो जालो
फातराचो
म्हजा फातराचो
तुज्या फातराचो
पिठो जालो
आमच्या फातराचो
पिठो जाला
मनीसपणाचो.

पिठो जाला
फातराचो
हो पिठो—
सर्मिद्रांत बुडकळी मारतलो
सर्मिद्रादेगेर अचानक
तोण जावन किल्लेतलो
तुंटेयत तुंटेयतां रूपांतर घेतलो
लोखंडा-कांडण जातलो
आनी
होच आसतलो यमकाळ
मनिसवंशाच्या विनाशाक
आज—
ना जाल्या फाल्यां

○

मुखार वचाय

मुखार वचाय
मुखार वचाय
भावांनो
भयण्यांनो
मुखार वचाय
मुखार वचाय

भिरांकूळ रातीक
लासून काडूक
पूर्विकांनी
जळयलेल्यो दिवट्यो
आनी नाकाय
हात सोडाय
मुखार वचाय
मुखार वचाय

उदेत आयला
वेळ सामकी
विसकळ बांदल्या
नवी वाट
संदेह नाका
अधीर नाका
मुखार वचाय
मुखार वचाय

अदृष्टाची ओवी
विसरूं दियाय
जागोर पदां
उमेदीन गायाय
नीट राबाय
हात घेयाय
मुखार वचाय
मुखार वचाय

○

तूं फूल जा

तूं फूल जा
हांव तुका
मात्यार माळीन
लक्ष्मी सदां म्हण्टा.

हांव तण जालों
पार्वतेन म्हजो चूडो केलो
आनी
म्हाका मात्यांत दवरलो.

○

रोयलें तें लुवंता

आदीं तुमीं
निराशा रोयली
देखून आज
दुकां लुवंताय
आनी
जीणे वाटेन
कांटो भल्ला म्हण्टाय.

आदीं हावें
आशा रोयली
देखून आज
आनंद लुवंता
आनी
जीणे वाट
म्हाका फुल्लांची दिसता.

○

With Best Compliments From
Dr. TMA PAI FOUNDATION
Syndicate House
MANIPAL - 576 1

कस्तुरीचो परमळ

कस्तुरीचो
परमळ भोगून
कस्तुरी सोदीत
भोवंता चितळ.
ताज्याच बोंबलेंत
कस्तुरी आसपाचो
खबर पाव
तेंच नेण.

○

तेल सेण्डील्लो रडता

तेल सेण्डील्लो
रडता
परतून काडूंक मेळना म्होण.

नाल्ल सेण्डोल्लो
रडता
परतून काडूंक कळना देखून.

आतां
कांय सेण्डनातुल्लोय
रडता
सेण्डूंक कायींच ना म्होण.

○

कुमसार

दिसवाडो उजवाड
आज म्हजा कूडांत पावना.
पावंचिना—
दारां तुजीं धांपून आसतना.

इन्द्रधनुची सोब
पूर्णपणान रुचूंक शकना.
शकचिना—
दोळे तुजे विसकळ नासतना.

तुजें सादेपण
म्हाका ओळकूंक मेळना.
मेळचिना—
भितर तुज्या फारिकपण आसतना.

उलोवपी उतरां म्हजीं
सूळार वताय.
वचूंना
तूं ओगी रावतना !

○

अभिमान

अक्षरांची
अरणी घांटली
उज्या सारकी
कवीत जाली.

एक एक उतर
आसलें रोखडेंच
अन्यायाकडे झुजपाक
म्हजें आग्नेयास्त्र.

शत्रु जाल्यार
अमर आसलो
म्हज्या उतरांचो
गोबोर उबलो.

न्याय हांगा
म्हारग जाला
अन्यायाची
राशी आसा.

पद्मव्यूहांत घुपसल्ले
अभिमन्यू सारकोच
आज जाला—
म्हजो
तुजो
अभिमान

○

तो तूंच

हें कमळ
देंट मोळ्ळेलें
हें कमळ—
तेंच असा !

हें कमळ
तेंच, व्हय तेंच !
सकाळीं
तळयेंतसून काडलेलें,
तुजेच खातीर
अनवाळपणान हाडलेलें,

हें कमळ
मदीं रसत्यार
काळसांगुळे चेडयान मागलेलें,
दिवंना म्होण हावें
त्रिपोवन धरलेलें,
तेन्ना—
ताणे जोण्य मारलेलें
आनी दॅंट मोडलेलें
तें कमळ…
आतां
हांगा
तुज्या गर्भकुडांत !
तुज्या कडेच देवताना
म्हाका अद्भुत दिसता
आनी
आंग फुलेता.

पिरथमच आसा
तूं अद्भुत दाखोवपी
एक फन्ता
द्वारकेंत बसूनूच
दूर—
सुधामाली खोंपी
रावळार केलेली.
आनी आज
एक अनवळखी चेडयान
वाटेर जोपय मारलेलें कमळ
तुज्या पावलांचेरीच पावल्यां—
हो अजापूच !
आनी फाल्या
तूं
कितें कितें दाखयतलो
कोण जाण !

○

With Best Compliments From
Dr. TMA PAI FOUNDATION
Syndicate House
MANIPAL - 5761

कोंकणी

तळयांतुलें माळीक जशी
सोबीत आसा कोंकणी
उदकांतसून भायर सरून
मळबा दिकान नीट जाल्या.

आनी कोणाक हुसको नाका
पोसूंक जातलें कशि म्हणून
थंडसाणींसून उबजलेली
दोवाशेळींत मुरडेवंना.

आनी कोणय चाळोवनाकात
त्राण तिका नाच म्होण
उज्या हुनसाण रुचलेली
वोता तापांत बावंचिना.

तुमी कोण आठोवनाकात
साहित्य तिका ना म्हणून
फुलूल राबल्या फुलाकडे
मागण्याक दिवंक म्होव आसा.

○

मातये बावली

आंग दुखलें
हूम व्हावली
माती कालोवन
बावली केल्ली
जीव फुंकप
जालो तिज्यांत
    ही मातये बावली
    ही माते मूर्ती.

भाव इतल्यान
भावाचेर कोपलो
बावलेचो केल्लो
देखून कुडको
    ही मातये बावली
    ही माते मूर्ती.

रगत व्हावलां
बावलेक दुखलां
कुडको कुडक्याक
मेळूंक सोदता
        ही मातये बावली
        ही माते मूर्ती.

रेणुकेलो पूत
येवूंक आसा
कुडको कुडक्याक
पासूंक आसा
भावांलो कोपु
निवाळूंक आसा
        ही मातये बावली
        ही माते मूर्ती.

○

वर तूं कोणाक दिता

आबोलेचीं फुलां काळ्ळीं
गांथून केल्ली माळा
शांतादुर्गाक माळूक हावें
सोबीत सुंदर हार दिल्लो.

एक सरि फूल ना
एक सरि कोळो ना—
आबोली आतां बेजार जाल्या
आबोली म्हजेर रागार जाल्या—
सांग माये सांग
आबोलेकडे सांगूं कितें ?

आबोलेन फूल दिल्लां
हावें तरी हार दिल्ला
एक हान आबोलेचो
आनी हात मिगेलो—
सांग माये सांग तूं
वर आतां कोणाक दिता ?

○

कोपु तुजो बुडलो

पुनवेचा
चान्या रातीं
फुगड्डे खेळूंक आयलें
तूं नाचूंक गावूंक आयलें.

गाल्लावेलो
कोपु तुजो
गीतांत भरसी बुडलो
आगो, गीतांत भरसी बुडलो.

○

लिखणी

तुमी साबाव
सोनो बसतले,
विचार तितलेय
बरोवंका हावें
ताळियो मेळताय
केन्नाय तुमकां
हावें अशीच
झरेयनूच रावचें.
कितले काळ
आनी अशी ?

उणेच काळ
प्रिय लिखणे
विचार म्हजांतले
थांब मेरेन.

ताळियो घेतां
तें खरें.
थोड्या वेळार
गाळेय घेना काय ?

नेण तूं
म्हजा लिखणे ?
जें म्हाका आज मेळता
सगळो वांटो तुकाच आसा.

आनी जाणा जा
प्रिय लिखणे—
विचार म्हजे
फाल्या थांवचे.
अस्तित्व तुजें
केन्ना उरचें
सूर्य आनी चन्द्र
आसा मेरेन.

○

व्होडो रुचलोना

मावूळ भयणीले
लग्ना दिसांक आमगेर
बारापळेची
मावशी आयली.

ओवि म्हणून
व्होडो तेळूंक
सेजारण्यांक मेळोन
वासरेंत बसली.

गायता गायता
रात सोंपता
व्होडो रुचूंक
पुण विसरता.

○

परब

आंब्या सावटांत
शेळवोत रुचून
उमेदीन करतालों
नवें कवन.

"परबे खातीर
केळ्या बाळूक तेळका.
आंगडींत वचून
तेल हाडाय—"

प्रेमळ उतरां
आयकून बायलेलीं
अर्धार रावयली
काव्य रचना.

रित्तो डब्बो
हातांत लांब्रोवन
चमकलो सामकी
तेला आंगडींत.

आंगडी मुखार
आसा लोक
म्हस्त दूर
पावल्या फान्ती.

सूर्या तापांत
हुमेन न्हावन
दादल्यां फान्तींत
मागल्यान राबलों.

भितर उदेल्ली
कवीत सोडून
गोंदळां भितर
सेणलों स्वय.

तिनसांजेवेळा
मुखार पावंतां,
सांगता आंगडीकार
तेल सरलें म्होण !

आयलो कोपु
चाबून धरलो
मातें बागवोन
घरां परतलों.

रित्तो डब्बो
हातांत देखून
बायल कोपता
तोंड घुवंडायता.

बाळूक नातिल्लेंय
परब जाता
प्रेमळ दोस पुण
नष्ट जालोच.

रित्तो डब्बो
मेजार दवरलो
अपूर्ण काव्य
पिंजून उडयलें.

○

म्हजो देश

वामना वरी
हांव
वाडुतलों.

मळबा इतल्यान
हांव
पावंतलों.

तुजे विशीं
हांव
गायतलों.

तूं इतली साबार
क्षमाशील म्होण
दिकदिगंतर
उल्लो मारीत
हांव जाणयतलों !

○

नाराणत्त

सकलचो फातोर
धुंगळनु धुंगळनु
पर्वताचा
उंचार व्हेलो.
परतून मागीर
धुंगळनु सोळ्ळो.
घुवनु घुवनु
फातोर उगी सकल पावंता.
ताळियो मारून
तूं हासून नाचता.

सदांच तुवें
असीच दाखयलें.
सकाळ लागून दनपार पर्यांत
आवर्तनां जायतीं जालीं.
देखतल्यांक पुण
कांय समजलेना
पिशेपण म्हुण
लोक हासलो.
आनी तुका
सांकळेंत घालो.

उणें काळानी
तुज्या मृत्युचा उपरांत
संदेश तुजो
सगटांक समजलो.
आरोहण
कठीन आसा
अवरोहण तरी
उगी पावंता.
अध्वानपणान
जोडून घेताय
उणे घडियांनी
पिसडून दिताय.

तेन्ना तुका
देवमनीस केल्लो.
तुका सांकळेंत बांदिल्या रुका मुखार
वात जळ्ळी.
तूं चडलेल्या पर्वताचेर
सगट चडून आंगवण पावंताय.
देखून आयज
म्हाकाय दिसता—
पिशें आशिल्लें
तुका न्हय
पुण आशिल्लें
तुका बांदिल्ले सांकळेकच.

○

पौषाचीं मोतीं

गुलाबा फुल्लावेलो
दोवा थेंबो
मोतियेवरी
सोबून आशिल्लो.

काडूंक पुण
बोटांत मेळना
फुल्ला भितर
देवन वता.

○

तुजा उतरांत म्होंव भल्ला

तुजा उतरांत
मोग भल्ला
देखून
म्होंव आसा.

म्हजा म्हणयेक
हावेश भल्ला
देखून
आवाज मेळ्ळा.

○

निंदा

फालफाल्यार—
हांसकुर्याया फुलाचेर
शृष्टीवेलो
तुजो
म्हत्व
प्रकटलो.
—हांव
आनंदीत गायलों !
पुण
"स्तुतिपाठक" म्होण
चाळयत चाळयत
ते चलताले—
वाटळ्योभर
तरा तरा फुलां
आनी
फळां व्हावन
दोंगरा सामकी
ते चलताले—
तुजाच्च
भेटेक !

आतां
सगट चराचरां
निश्चेष्ट आसतना
मध्यरातीवेळे निगूटतायेंत
व्यापून रावपी
प्रपंचाचा मोनेपणांत गुपित
तुजें
सांत्वनी उतर
हांव ओळखलां.
आनी
म्हाका
आनन्द भोगला.

पुणून
हांव
ना गायलों.

○

प्रकृतीचो गंध

आषाढांत
पावसाक
मातयेचो
वास.

भाद्रपदांत
ल्हाराक
भाताचो
वास.

वैशाखांत
वार्याक
पणसाचो
वास.

शेतकाराल्या
हूमेक सदां
उमेदीचो
वास.

○

मेळु मांडलो ना

भोगोंतीचा देवळाकडे
फालगुनाचो सिगमो जालो
मोर नाचलो
म्हारवो नाचलो.

दुवादशी राती मागीर
गोड्डे पळ्ळे.
सगट नाचून
उकळी न्हाल्ले.

मेळु मांडूक
नाचूंक बाये
तूं मात्र
पावलीच ना—

○

फुलझाडी फूल

सूर्य वता
दीस सरता
तूं गो पापणी
जन्माक येता.

परमळ नासतना
अंगुटकाय नासतना
कोण गो तुजो
मोग करचो ?

अपुरबाय मेळना
भोमान मेळना
धाकली धूव
तूं धर्तरेची.

सपनां देखना
परिभव दाखयना
जीवित गो तुजें
पावसाळे फुग्याचें.

एकसुरीं येवंचे
सोनेपण भोगचे
तुजे खातीर गांथल्या
काळजांतली कविता !

○

सोमालीया प्रिय सोमालीया–

दीस तितलेय
झुजून सरताय
रात सगल्योय
तुका निदून विसरयेत.
भूक—
भूक मोरुनूच निवाळका.

मेकळेपण
मागून घेवंचें
मेकळेपण
झुजून घेवंचें.
म्हज्याय तुज्याय
कोपलांत बरयल्लें—
सोमालीया,
प्रिय सोमालीया.

○

चवथे माटवी

घरा मागल्यान
पोरसांतसून आमचा
भारी मोठो
सूर्नु मेळ्ळो.

गणपतीचा देवळांत
अंदं
चवथे माटबेक
लांबोवंक म्होण
बाळगून मेळ्ळो
सूर्नु दिल्लो.
वाडकुळो मोठो
सूर्नु दिल्लो.

चोवूंक गेल्लो
दुःख जालें:
माटवेचा मद्दें
सूर्नु ना !
मोठो दूदी
लागी आसल्यान
सूर्नु म्हजो
मुखार दिसना !

घरा मागल्यान
पोरसांत हावें
व्हडलो सूर्नु
रोवन घालो.
लागी चवथेक
माटवेक बान्दूक
आनीकय व्हडलो
सूर्नु जाय !

गणपति राया
राक म्हाका
तूंच आतां
पांव गा
लागी वर्सा
चवथे वेळार
दुद्या पशिं व्हडलो
सूर्नु दी !

With Best Compliments From
Dr. TMA PAI FOUNDATION
Syndicate House
MANIPAL - 576 1[illegible]

तूं दूर राब

आदीं चेरडूं आसतना
बापसूचे नष्टांतसून
आवसूले मोनेपणांतसून
तुका ओळकीलां.

भुरगेपणांत पावंतना
बांधवांचे दुखांतसून
तुजे विशीं
चड जाणा.

तरनेपणांत आतां
शेजार्यांले अश्रूंतसून
इष्टांचे अश्रूंतसून
तुका सामकी समजलां.
तूं इतलो ओळकीचो जाला
तूं म्हजो इष्ट जाला !

हांव जाणा
वाटेर तूं आसतलो म्होण !
हांव जागोर
वाटेर तुका मेळतलो म्होण !
तूं म्हाका ओळकीचो
तूं म्हजो इष्ट
पुण—

म्हाका चलचें आसा
म्हाका पावचें आसा
म्हाका भोगचें आसा
म्हाका जिकचें आसा
तेद्दोळ—
तूं दूर राब !

○

उतरां

सांगता तरी सांग !
सशक्त उतरांनी सांग !
सांगचें म्होण दिसल्लें
सधीर राबून सांग !

चूक म्होण समजलेलें
बोट लावन मांग !
सम म्होण दिसतल्लें
संशय सोण सांग !

दादलो तरी बागवंचोना
बायल तरी बागवंचीना
भान सेणिल्लीं नपुंसकां
कोणाचेय मुखार बागवतलीं !

कोण कोणाचो गुलाम न्हय
कोण कोणाक भिवंचे न्हय
अमी सगळे मेकळून आसतना
आमीच आमका सांकळ नाका !

सांगता तरी सांग
सशक्त उतरांनी सांग !
सम म्होण दिसतल्लें
समच राबून सांग !

○

निळा आजून व्हावंता

निळा, भगिनी,
तूं सैमाची वरदान !
भूतकाळाचा अनंततेंत सून
भविष्याचा अनंततेंत अविरत व्हावंपी
तुजें म्हत्व गावूंक हांव कोण ?
एक रेवेंकण इतलोच !
तरीय म्हजीं हीं उणीं अक्षरां
तुजेर येस आवंडेवपी अक्षतां जावूं.

शंबर सहस्र वेदमंत्र
आयकुपान आपणायलेलीं अग्रगण्यां
अद्वैताचो पवित्र जन्म
पयलीं पळयलेली पुण्यवंती !

प्रपंचांत प्राण घालपी
किर्णांक तेज दिवपी
उजवाडाकडेची सूर्यगायत्री
तुज्या हळूहळू आवाजांत लागेन
आयकूंक मेळता !
तुज्याच स्फूर्तींत घुंतल्यो रामानुजानी
पुराणांच्यो पोवळ्यामाळा !
वावरून हाडली संस्कृताय
विश्वभर कीर्ति पावली
चलून गेल्लीं साम्राज्यां
नीतिपणाक दिष्टांत जालीं
विसकळ देय्यार घडयलेलीं मामांगां
इतिहासांतल्यान आजून जियेताय
उदंतेकडसून अस्तंतेकडे
कितलो पावटो सूर्या भोवंता !
नवे नवे पिळग्यांक
इतिहास सांगपाक
तो काळ मेरेन तूं जितो आसूं !

काकालीन

येयाय सायब्रा
हात चोवंया!
बोरो वाचीन
भविष्य सांगन!

वाटेकडेर बसून
काकालीन आपयता.
काकालिनीकडे
हात दिल्लो
उतरां खातीर
कान दिल्लो
भविष्य आयकूंक
तयार जालों.

नीट बसली
आंवडो गिळ्ळो
हाता ताळव्यार
बोडी लायली
काकालीन मागीर
वाचाल जाली.

भाग्यवंत मनीस गा !
देवकृपा
खूब आसा !
आयुररेखा
दीग तुमचो !
निष्ठवंत
गृहस्त आसा !
पत्नीक तुमी
उत्तमपुरुष !
निर्दोष सभावान
गुणेस्त मानताय.

वेवस्थिती आयची
समा ना म्होण
साम्के मनिसाक
सोदून भोवंता !

सामको मनीस—
सामको मनीस !
रोखडींच मेळतलो !
केन्ना मेळना
कशि मेळता
खंय मेळता
सांगन हांव
दवराय सायबा
म्हजो वांटो !

काकालिनील्या मांडाचेर
रुपया उडयलो—
हाता ताळवो
विसकळ घरलो
बाकी आयकूंक
तयार जालों.

तोंडावेली हूम
वर्लाक ओपली
काकालीन
भव्यपणान म्हणूक लागली.

सामको मनीस
सामको मेळतलो !
मार्गार जावयें
ओणींत जावयें
सांकवार जावयें
गजनीबांदार जावयें !

ना जाल्यार
घरांतच जावयें !
देवाचांतरी
सांगन हांव
सामको मनीस
आजच मेळतलो !
उतरां म्हजीं
फटी जायनाय—
शास्त्र आमचें
केदाण चुकना !
सामको मनीस
सामकीं मेळतलो !

रुपया काडून
दोळ्यांक लायलो
कुरटावेल्या बोलसांत
संत सिरकायलो.

फडिपाना करंड्यांतसून
फडिपान काडलें.
पानाचो
देंट मोडलो
चून्नो सारयलो
फडी दवरली
पान कवळून
तोणांत घुंगळें.
धुवरापानाचो
कुडको चाब्लो.
काकालिनीले वंटांचेर आतां
दसण फुलल्या !

सामके मनिशाक
सोदून भोवंतां.
सामको मनीस
सामकीं मेळना !
मार्गार ना
ओणींत ना
मांकवार ना
गजनीबांदार ना !

आयलेल्या वाटेनच
परत चमकतां.
सोदतां सोदतां
घरांत पावंता.

भितर कूडांत
दीव्या उजवाडांत
आलमारीचे
हारस्यांत
म्हाकाच हांव
सामकों मेळता !

होच आसा
सामको मनीस !
काकालिनीक
केदाण चुकना !!

○

चत्राय

तेरणी — महाराष्ट्र राज्याची एक न्हंय जिचे देगांर आकांताचो भुंयकांप जालो. (पान 19)

पिठो जालो कातराचो — अयोध्येंत जाली घडणूक (पान 27)

फुगड्डे — गीतां सयत करचो बायलालो एक लोकनाथ (पान 45)

व्होडो — वरडिके दिसानी करचो तांदळाचो तळिल्लो खाजगें (पान 48)

नारायणत्त — वररुचीलो पूत. इतिहासीक महापुरुष. विष्णुलो अंश म्हण्टाय. (पान 53)

मेळ — वाद्य सयत गावप आनी नाचप (पान 61)

With Best Compliments From
Dr. TMA PAI FOUNDATION
Syndicate House
MANIPAL - 576 104



This is the third volume of poems by Sri. R.S. Bhaskar. Previous volumes were "Aksharam" and "Panchayatanachi Bhajan Mala".

Sri. Bhaskar was born at Cochin (then British Kochi) in 1947 as the second son of Smt. Kalavathy and Late Ramdas Shetty. He had his school and college education in Cochin itself. Presently he is employed at the Cochin University of Science and Technology. He is married to Smt. Radhamani and they have a son – Rajeev. Sri. Bhaskar resides at "Ram Mandir", 10/539, Janardhana Temple South, Amaravathi, Cochin 682001.

R.S. Bhaskar hails from Kerala but his Konkani appeals to all Konkani speakers. His poetry is primarily intellectual but is far from dry. His thoughts are clad in images picturesque and bristling with life. His poems though terse are telling, his language chaste and appealing. Sri. Bhaskar has something to say and he says it eloquently and in a masterly way. He does not seem to imitate any other poet and is himself inimitable.

– Dr. MANOHAR RAI SARDESSAI

He has been recently nominated to the Konkani Advisory Board of the Sahitya Akademi, New Delhi and to the Executive Body of the All India Konkani Parishad, Goa. He has received many honours and awards, the latest being the Konkani Bhasha Prachar Sabha (Kerala) Sahitya Puraskar for his poetry collection "Aksharam". His poetry has appeared in many magazines and poetry collections. He has represented Kerala at many All India level poet meets. All India Radio, Dharwad and Panaji have broadcast his recitals. He has received laurels from literateurs of Kerala, Karnataka and Goa. His is a poetry of rare freshness, yet thought provoking. His contribution to modern Konkani poetry of Kerala is significant.

KERALA KONKANI ACADEMY PUBLICATION

ISBN–81–85367–26–4 Rs. 40.00